# आयटीआय अभ्यासक्रम परीक्षांचो निकाल जाहिर

ता. 19 जून 2017

29 ज्येष्ठ 1939

परीक्षा मंडळान मार्च -एप्रिल 2017 त घेतलेल्या काराागिर आनी अल्पमुजत अभ्यासक्रम परीक्षांचो निकाल जाहिर केला आनी निकाल संबंदीत आयटीआय केंद्राच्या नोटिस बोर्डाचेर लायला.

अनुत्तीर्ण विद्यार्थ्यांनी ऑगस्ट म्हयन्यात घेवपात येवपी परीक्षेक बसपाखातीर संबंधीत आयटीआय केंद्रात संपर्क करचो. संबंदीत आयटीआय केंद्राचेर अर्ज स्वीकारपाची निमणी तारीख 10 जुलय 2017 आसा आनी हे अर्ज चलन आनी हेर दाखल्यासयत संबंदीत आयटीआय केंद्रांकडल्यान ता. 14 जुलय 2017 मेरेन कौशल्य विकास आनी उद्देजकता विभाग, पणजी हांगा पावपाक जाय.

तशेंच गुण फेरतपासणीखातीर ता. 27 जून 2017 मेरेन अर्ज स्वीकारतले आनी 30 जून 2017 पर्यंत परीक्षा विभागाकडेन धाडटले.